# राज्यपालाकडल्यान नव्या वर्साची परबीं

ता.30 डिसेंबर 2017
9 पौष 1939

गोंयची राज्यपाल डॉ.(श्रीमती)मृदुला सिन्हा हांणी गोंयच्या लोकांक 2018-नव्या वर्साची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, ''नव्या वर्साच्या शुभ आनी उमेदीच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक काळजासावन परबीं भेटयता.

सबंद संवसारात नवें वर्स व्हडा उमेदीन आनी उत्साहान मनयतात. समाजातले वेगवेगळे लोक नव्या वर्साक काळजातल्यान येवकार दितात. नवें वर्स आमच्या जीणेत उमेद आनी उत्साह घेवन येता. आयज आमी आमच्या जीणेच्या आनीक एका वर्सात पावल दवरतात. फाटल्या वर्साचो नियाळ करून भविष्याच्या वाटचालीची तयारी करपाक हो म्हत्वाचो प्रसंग आसा. ह्या प्रसंगार आमी समाजातल्या लोकांमदले मतभेद-वायटपण विसरून मोग आनी इश्टागतीचे नाते वाडोवपाचो यत्न करपाक जाय. नव्या वर्सात पावल दवरताना आमी शांतीकाय, सलोखो आनी एकवटान जगपाक कटिबद्ध जावपाक जाय.

ह्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक राज्याक उदरगतीच्या नव्या तेंगशेर पावोवपाक सामाजिक सलोखो आनी शांतीकाय कायम राखपाचो उलो मारता. गोंयाक शांतिकायेचे राज्य म्हुण नावलौकीक आसा. गोंयात वेगवेगळ्या धर्मांचे लोक न्हय फक्त सलोख्यान रावतात, जाल्यार एकमेकांच्या सांगातान जगतात. हांगा वेगवेगळे उत्सव व्हडा उमेदीन मनयतात आनी वेगवेगळया जाती-धर्मातले लोक सलोख्यान सहभागी जातात. हांव ह्या प्रसंगार गोंयच्या लोकांकडेन गोंय हे नितळ राज्य करून हेरांक आदर्श थारपाखातीर प्रामाणिकपणान यत्न करपाचो उलो मारता.

हे वर्स प्रत्येकांच्या जीणेत चड शांतीकाय, खुशालकाय आनी भरभराट घेवन येव,'' अशें राज्यपाल फुडें म्हणटा.